Prabodhan Educational Society's

Vidya Prabodhini College of Commerce, Edu. Comp. and Mgmt., Parvari Goa

**KONKANI ELECTIVE – FUNCTIONAL KONKANI -I**

**TY/FOYBABED SEMESTER END EXAMINATION JANUARY 2022**

**Semester: -V/VII** **Duration: 2 hours** **Max. Marks: - 70**

**सुचोवण्यो :-**

1. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसा
2. प्रस्ना सामकार दरेका प्रस्नाचे गूण बरयल्यात.
3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

प्र.1.सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. (2x8=16)

1. पल्स पोलिओचे लसीकरणाची कार्यावळ लोकांमेरेन पावोचें अशें परिपत्रक शिक्षण खात्याचे वतीन तयार करात.
2. रस्तो रूंद करपाचे नदरे रस्त्यावेली कांय घरा सरकारान मोडपाची थारायल्यां. त्या घरमालकांक धाडपाचो सरकारी आदेश तयार करात.
3. वाचनालयांतली व्हेल्लीं पुस्तकां परत हाडून दिवचीं अशें उगडास पत्र ग्रंथपालाचे वतीन तयार करात.

प्र 2. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन प्रस्नांच्यो** जापो बरयात. ( 2x7=14)

1. मंये पंचायतीची ग्रामसभा जाली अशें समजून तिचें इतिवृत्त तयार करात.
2. तुमच्या महाविद्यालयांतल्या कोंकणी विभागाचो वर्सुकी अहवाल तयार करात.
3. परेश नायक हांची कला आनी संस्कृती संचालनालय हांगा संचालक म्हूण नेमणूक जाल्या. ताचे नेमणूक पत्र तयार करात.

प्र .3 सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एक प्रस्नांची** जापो बरयात . (1x10=10)

अ) शिपणे खात्यांत एका लिपीकाची सुवात रिती आसा अशें समजून ते सुवातेखातीर एक अर्ज तयार करात.

**वा**

ब) सॅट झेवियर्स महाविद्यालय म्हपशें-गोंय .हांगा एका विज्ञान शिक्षकाची सुवात रिती आसा अशें समजुन ते सुवातेपासत अर्ज तयार करात.

प्र .4 सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एक प्रस्नांची** जापो बरयात . (1x10=10)

अ) गोंय सरकाराच्या वीज खात्यांत काम करपी एका कारकुनाक मलेरियाचें दुयेंस जालां. ताणे मागिल्ल्या दुयेंस-रजेचो नमुनो तयार करात.

**वा**

ब) सरकारी हायस्कुल म्हपशें- गोंय हांगा शिकोवपी एके शिक्षिकेक अवचीत रजा जाय. ते रजेचो नमुनो तयार करात.

प्र 5. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एक प्रस्नांची** जापो बरयात. (1x10=10)

अ) तुमच्या महाविद्याल्यांत जाल्ल्या युवा कोंकणी साहित्य संमेलनाची खबर दिसाळ्याक धाडपाचो नमुनो तयार करात.

**वा**

ब) आकांताच्या पावसाक लागून एका अनाथ मनशाचें घर मोडून पडले. देखून लोकानीं ताका आदार करचो अशें आवाहन खबरेपत्राखातीर तयार करात.

प्र 6. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **एक प्रस्नांची** जापो बरयात. (1x10=10)

क) नामनेचें कोंकणी  साहित्यीक दामोदर मावजो हांकां प्रतिशठेचो ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळिल्ल्यान खबरापत्रा खातीर मुलाखत घेवपाक एक प्रस्नवळेरी तयार करात.

**वा**

ब) दूरदर्शनाखातीर एका थंडेच्या वखदाची जायरात तयार करात.